# <u>एरियल वीज केबल यंत्रणां कार्यान्वित</u>

ता. 15 फेब्रूवारी 2018

26 माघ 1939

घरनिर्माण मंत्री श्री. जयेश साळगांवकर हांणी काल रेईश-मांगूश वाठारांत नवीन घातलेल्या उच्च दाबाची वीज केबल यंत्रणां कार्यान्वित केली.

रेईश-मांगूश वाठारांत वीज सरयांक सवणी आदळून, माडांची चुट्टा पडून, झाडां पडून वीज पुरवण खंडीत जाताली, पूण आता एरियल कोटिंग केबल घातिल्ल्यान परत परत वीज पूरवण खंडीत जावपाचे प्रकार थांबतले, तशेंच वीज गळटीय बंद जातली.

श्री. साळगांवकर हांणी ह्या वेळार उलयताना रेईश-मांगूश वाठारांत वीज खात्यान एरियल कोटिंग वीज केबल यंत्रणा उभारिल्ले खातीर समाधान उक्तावन उरिल्ल्या वाठारांत अशी वीज यंत्रणा उबारपाखातीर लोकांनी सहकार्य करपाक सांगले. रेईश-मांगूश वाठारात 8 कोटी खर्च करून साडेअठ्ठावीस किलोमीटर एरियल केबल यंत्रणा घालतले.

ह्या वेळार रेईश-मांगूशचे सरपंच श्री. शैलेद्र परूळेकर, उपसरपंच श्रीमती सिया नागवेकर, पिळर्णचे सरपंच श्री. पियेदाद आल्मेदा, नेरूलचे सरपंच श्री. प्रकाश होबळे, हेर पंच वांगडी आनी वीज खात्याचे अभियंते हजर आशिल्ले.